# पांच केंद्रांचेर जातली एलडीसी पदां खातीरची परिक्षा

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी



**पणजी:** गोंय कर्मचारी भरती आयोगान जायरात दिल्ल्या 232 एलडीसी पदां खातीरची परिक्षा 5 केंद्रांचेर जातली. परिक्षेची हॉल टिकेट सगळ्या उमेदवारांक आयोगान मेलाचेर धाडलां. आग्नेल इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नोलॉजी (आसगांव), सेंट झेवियर (म्हापशें), डॉन बॉस्को अभियांत्रिकी म्हाविद्यालय (फातोर्डें), रोझरी म्हाविद्यालय (नावेली) आनी एनआयटी कुंकळ्ळी ह्या केंद्रांचेर परिक्षा जातली. परिक्षेची तयारी आयोगा कडल्यान सुरू आसा.

आयोगान परिक्षेच्यो तारखो जाहीर केल्या. पेपर जातकच उमेदवारांक गूणण कळटले, अशी म्हायती गोपांनी दिली. एलडीसी खातीर 22,045 जाल्यार स्टेनोग्राफर पदा खातीर 780 अर्ज आयल्यात.

आयोगा वतीन 1,925 पदां भरपा खातीर जायराती जारी जावपाची प्रक्रिया सुरू जाल्या. पांवड्या पांवड्यान जायराती जारी जातल्यो. एलडीसीची 232 आनी स्टेनोग्राफराची 53 पदांची जायरात 21 नोव्हेंबराक जारी जाल्ली. जायराती सयत परिक्षेची पद्दत तशेंच अभ्यासक्रम आयोगान जारी केला. एलडीसी आनी ज्युनियर स्टेनोग्राफर पदा खातीर दरेकी 60 गुणांचें सीबीटी- 2 आनी सीबीटी – 3 अशे दोन पेपर आसतले. दरेका पेपरा खातीर 75 मिणटांचो वेळ आसतलो.

एलडीसी खातीर संगणकाच्या ज्ञाना सयत इंग्लिशींतल्यान टायपिंगेचीं 30 शब्द प्रती मिनीट अशी स्पीड गरजेची. ज्युनियर स्टेनोग्राफर पदा खातीर शॉर्ट हँडची प्रती मिनीट 100 शब्द आनी टायपिंगचीं 35 शब्द प्रती मिनीट अशी स्पीड गरजेची आसा.

एलडीसीची पदां आदिवासी कल्याण 2, प्रोसीक्युशन 2, कुशळटाय उदरगत 3, येरादारी 2, बंदखण निरिक्षकालय 9, पुराभिलेख 1, वजन माप 1, उच्च शिक्षण संचालनालय 10, दंत म्हाविद्यलय 2, ग्रामीण उदरगत 2, शिक्षण 16, म्हायती व प्रसिद्धी 6, तंत्रीक शिक्षण 21, छपाई आनी मुद्रण 2, जमीन सर्वेक्षण 22, शेती 7, वीज 14, जिल्होधिकारी (दक्षीण) 15, मुखेल वेंचणूक अधिकारी 3, फॅक्टरी व बाश्पक 3, पर्यटन 7, राज्य नोंदणी आनी नोटरी सेवा 3, वेवसायीक कर 5, दक्षता 12, पर्यावरण आनी हवामान बदल 1, नियोजन आनी सांख्यिकी 16, पुलीस 17, सहकार 7, उद्देग आनी वाणिज्य 4, भौशीक कागाळी 3, म्हायती तंत्रज्ञान 3, नागरी पुरवण 1, खेळां व युवा वेव्हार 5, लेखा संचालनालय 5 ह्या खात्यांत आसा.

## सिकेरी-कांदोळे पुलिसांचे धाडींत 1.31 लाखांची बंदी घातिल्ली सिगरेट जप्त

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पणजी:** कळंगूट पुलिसांनी सिकेरी - कांदोळे धाड घालून बंदी घातिल्ली सिगरेट विकपी मनराम देवासी (27, काणका- म्हापशें) आनी शाहरुख खान (24, उत्तर प्रदेश) हांकां अटक केल्या. ताचे कडल्यान 1.31 लाख रुपयांची प्रतिबंधीत सिगरेट जप्त केल्या.

कळंगूट पुलिसांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण सिकेरी-कांदोळी वाठारांतल्या एका दुकानांत प्रतिबंधीत सिगरेट विकपाक लागल्यात अशी म्हायती पुलिसांक मेळिल्ली. ते प्रमाण पुलीस निरिक्षक परेश नायक, उपनिरिक्षक परेश सिनारी आनी हेर पंगडाच्या मार्गदर्शना खाला शेनवारा 4 तारखेक 7.45 ते 9 मेरेन. संबंदीत दुकानाचेर धाड घाली. त्या वेळार पंगडाक 1 लाख 31 हजार 500 रुपया मोलाचीं 263 पॅकेट बंदी घाल्लीं सिगरेट मेळ्ळीं. उपरांत पंगडान वयलीं सिगरेट जप्त केलीं. तशेंच विक्रेते मनराम देवासी (27, काणका- म्हापशें) आनी शाहरुख खान (24, उत्तर प्रदेश) हांकां अटक केल्या. ताचे कडल्यान 1.31 लाख रुपयांची प्रतिबंधीत सिगरेट जप्त केल्या.

## शेनवारा मुरगांवां पालिकेचे कारवाये उपरांतूय आयतारा खारीवाड्यार ठोक नुस्तें विक्री नेटान

### मुरगांव पालिकेक नुस्तें विक्रेत्यांचें आव्हान

■ भांगरभूंय प्रतिनिधी



शेनवारचे कारवाय उपरांत आयतारा खारीवाड्यार नुस्तें खरेदी करपाक जाल्ली लोकांची गर्दी. (अक्षंदा राणे)

**वास्को:** मुरगांव पालिकेन खारीवाड्यार बेकायदो ठोक नुस्तें विक्री करपी संबंदितांचेर शेनवारा कारवाय केले उपरांत परतून थंय आयतारा संबंदितांनी नुस्तें विक्री करून पालिके मुखार आव्हान उबें केलां. ह्या वेळार तांचे कडेन नुस्तें खरेदी करप्यां कडल्यान थंय गर्दी जाल्ली. संबंदित विक्रेत्या आड मुरगांव पालिके सयत, येरादारी पुलीस, येरादारी खातें हांणी लेगीत कारवाय करपा खातीर सहकारचें असो उलो मुरगांवचे नगराध्यक्ष गिरीष बोरकार हांणी केलां.

शेनवारा कारवाय करून लेगीत नुस्तें विकप्यांनी आयतारा थंय परतून नुस्तें विकपाक सुरवात केली. पूण तांचेर कारवाय करपाक थंय कोणूच आयले ना. ताका लागून लोकां मदीं चर्चा सुरू आशिल्ली.

खारीवाड्यार पयलीं दोन तीन नुस्तें विक्रेते थंय ठोक दरान नुस्त्यांची विक्री करताले. थंय नुस्तें सवाय विकतात, ताका लागून थंय सदांच गर्दी आसता.

पूण आतां थंय विक्रेत्यांची संख्या वाडून सुमार धा पट जाल्या. ह्या विक्रेत्यांक लागून मार्केटात नुस्तें घेवपाक गिरायक येनात, देखून तांच्या वेवसायाचेर व्हड परिणाम जाल्ल्याचो दावे मार्केटांतल्या नुस्तें विक्रेते करतात. ते खातीर तांणी मुरगांव पालिकेक सोंपो दिवप बंद केला.

शेनवारा नगराध्यक्ष बोरकार हांणी पालिका निरिक्षक, कामगार हांचे सयत खारीवाड्यार बेकायदो नुस्तें विक्री करप्यां आड कारवाय केली. हे कारवायेची नस्तें विकप्यांक आदींच सुलूच लागिल्ल्यान पालिकेच्या कामगारांक व्हड प्रमाणांत थंय नुस्तें विक्री करतना मेळ्ूंक नात. पूण आमची कारवाय सुरूच उरतली, अशें नगराध्यक्ष बोरकार हांणी सांगलें. पूण शेनवारा कारवाय केले उपरांत आयतारा थंय आदले परस चड गिरायकांची गर्दी आशिल्ली. ताका लागून मुरगांव पालिके मुखार आतां आव्हान उबें रावलां.

आयतारा पालिका कार्यालय बंद आसता. त्या वेळार पुलीस येरादारी पुलीस, येरादारी विभागाच्या अधिकाऱ्यांनी संबंदींत विक्रेत्यां आड कारवाय करपा खातीर सादूर रावचें अशें बोरकार हांणी सांगिल्लें. पूण ते उपरांत आयतारा तांकां प्रतिसाद मेळूंक ना.

# योग क्रांती उपरांत आतां पतंजलीचो पांच क्रांतींचो शंखनाद

**स्वामी रामदेवबाबा हांचो सकल्प: पतंजलीक 30 वर्सां पुराय**

■ खबरां मेज



**हरिद्वार:** पतंजली संस्थेचो 30 वो स्थापणूक दीस पतंजली वेलनेस, हरिद्वार हांगा आशिल्ल्या योगभवन सभाघरांत पतंजलीचे सर्वोच्च अध्यक्ष योगपीठ स्वामी रामदेव जी महाराज आनी सरचिटणीस आचार्य बालकृष्ण हांच्या हाजिरेंत जालो. ह्या कार्यावळींत देशभरांतल्या पतंजली योगपीठ संघटणेचे 6,000 परस चड प्रभारी हांचे हाजिरेंत स्वामी रामदेवबाबा हांणी फाटल्या 30 वर्सांची सेवा, संघर्श आनी साधनेची वळख करून दिली. पतंजली योगपिठाच्या फुडाराच्या येवजण्यांचेर तांणी ह्या वेळार उजवाड घालो.

योगक्रांतीच्या येसा उपरांत ताणें पांच क्रांतीचो शंखनाद केलो. तातूंत शिक्षण, वैजकी, अर्थीक, वैचारीक-संस्कृतीक आनी दुयेंस-दुख्ख-अपराध-निराशांतल्यान मुक्तताय हें व्हडलें काम पतंजलींतल्यान सुरू करचें पडटलें अशें सांगलें.

**पयली क्रांती:** शिक्षणाचें स्वातंत्र्य: भारतांत आयज 50 ते 90 आनी कांय कडेन 99 टक्के शिक्षण पुराय केल्ले लोक बेकार आसात, जे ड्रग्स व्यसनी, चरित्रहीन, निराधार भुरगीं, जांकां भुरगेपण, तरणाटेपण आनी आमचो वंश धोक्यांत आसा अशें ताणें सांगलें. पयलीं भारतांत आनी मागीर पुराय संवसारांत आमी नव्या शिक्षण वेवस्थेचें फुडारपण करतले अशें आमी थारायलां. पतंजली गुरूकुलम, आचार्यकुलम, पतंजली विद्यापीठ आनी भारतीय शिक्षण मंडळ आतां नवे प्रतिभावंत तयार करतले. फुडल्या पांच वर्सांत आमी 5 लाख शाळांक भारतीय शिक्षण मंडळा कडेन जोडटले असो आमचो संकल्प आसा. शिक्षण मळार एक अभिनव क्रांती जातली.

**दुसरी क्रांती:** वैजकी स्वातंत्र्य: दुयेंस हो आमचो सबाव न्हय, योग हो आमचो सबाव. आयज संवसारभर कृत्रीम वखदां, वेगवेगळे प्रकारचे स्टिरॉयड, वेदनाशामक आदी सेवन करून लोकांची कूड इबाडपाक लागल्या. वैजकी स्वातंत्र्या खातीर पतंजली निरोगीपण, योगग्राम, निरामायम, हॉस्पिटलां आनी भलायकी केंद्रां आनी आधुनीक संशोधनांतल्यान आमी ऋषी आनी विज्ञान हांचे दायज घेवन मुखार वतात. संवसारीक दर्ज्याच्या आंतरराष्ट्रीय नेमाळ्यांनी 5000 परस चड संशोधन प्रोटोकॉल आनी 500 परस चड संशोधन निबंद उजवाडाक हाडून आमी असाध्य दुयेंसां पासून मुक्ततायेचो मार्ग संवसाराक सादर केला. आमी लोकांक दुयेंत पडपा पसून वाटायतले आनी रोग जाले उपरांत योग-आयुर्वेदांतल्यान तांकां त्या रोगांतल्यान मुक्त करतले असो आमचो संकल्प आसा.

**तिसरी क्रांती:** अर्थीक स्वातंत्र्य: आयज संवसारभरांतल्या मुठभर लोकांची पुराय अर्थवेवस्था क्रूर पंजांत आसा. सेवे खातीर समृध्दी आनी दानधर्मा खातीर गिरेस्तकाय हें आमचें ध्येय. आतां मेरेन पतंजलीन शिक्षण, भलायकी, संशोधन, चरित्र निर्माण, राष्ट्र निर्माण आदी एक लाख कोटी रुपया मोलाचें धर्मीक कार्य केलां. 10 हजारां परस चड केंद्रां, 25 लाखां परस चड प्रशिक्षीत योग शिक्षक आनी 1 कोटी कामगारांच्या निस्वार्थी सेवेक लागून राष्ट्रनिर्माण आनी चरित्र निर्मितीचें हें सगळें सेवा काम सुरू आसा. स्वदेशी चळवळ इतली व्हड जावंक जाय की भारत अर्थीक लुटमार, गुलामगिरी आनी गरिबींतल्यान मुक्त जाल्यारूच परम वैभवशाली जातलो असो आमचो संकल्प आसा. बीपी, साकर, थायरॉयड, दमो, संधिवात, ताण, उदासीनताय, न्हीद आदी दुयेंसां खातीर गुळयांचो नानपयत करून आमी दर वर्सा 100 ते 200 लाख कोटी रुपया देशाक वाचयतात.

**चवथी क्रांती:** वैचारीक आनी संस्कृतीक स्वातंत्र्य: पयलीं संस्कृत विश्वाचो संदेश पुराय संवसाराक दिवपी भारत वैचारीक आनी संस्कृतीक गुलामगिरींतल्यान वता जाल्यार बरोबर न्हय. आयज भारत सगळ्या गजालीं खातीर संवसारांतल्या त्या गरीब देशांचेर आदारून आसा, जांकां फकत कांय कागदाचे कुडके, थोडे डॉलर वा पाउंड आसात. खरी आनी खरी संपत्ती म्हणल्यार फकत पयशे न्हय तर बरी भलायकी, सुखी कुटुंब आनी चरित्र, गिरेस्तकाय आनी दैवी संपत्ती ही खरी संपत्ती. आमी भारताक वैचारीक आनी संस्कृतीक गुलामगिरींतल्यान मुक्त करपाक जाय. देखूनच आमी म्हणटात की ह्या सनातन धर्माक, वेद धर्माक, ऋषीधर्माक, योगधर्माक युगधर्म म्हूण प्रचार करचो पडटलो.

**पांचवी क्रांती:** वेसन, दुयेंस आनी इत्सा हांचेपसून मुक्तताय: वेसनाचो धोक्याची खेळ संवसारभर चलता. भारतांत ड्रग्साच्या व्यसनाक लागून रोग, मद्यपान आनी अश्लीलतायेक लागून लोकांचें जिवीत नाश जावपाक लागलां. रोग, व्यसन आनी अश्लीलताय मुक्त जावपाचो आमचो संकल्प.

## लश्कराचें वाहन देगणांत कोसळून तीग जवान शहीद

**श्रीनगर:** जम्मू-काश्मीरांतल्या बांदीपोरा जिल्ह्यांत लश्कराचें वाहन देगणांत कोसळून जाल्ल्या अपघातांत तीन जवान शहीद जाले, जाल्यार दोग जाण जखमी आसात. जखमी तीग जवानांक हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात. बांदीपोरा जिल्ह्यांत कर्तव्याचेर आसतना वायट हवामानाक लागून लश्कराचें वाहन देगणांत कोसळ्ळें. जम्मू-काश्मीरांतलो फाटल्या 15 दिसांतलो हो तिसरो अपघात आसा.


**ई-लिलाव -रिफ्रेक्टरी साहित्याची विक्री (लॅडल विटो आनी पॅलेट्स)**
**"स्वतंत्र तत्वाचेर मालमत्ता" म्हणून, आयबीसी खाला, 2016**
**मार्मागोआ स्टील लिमिटेड - (लिक्विडेशनांत)**
**सीआयएन : L27106GA1987PLC000764**

**दिवाळखोरी आनी शोधन अक्षमता संहिता, 2016 च्या तरतुदी खाला विक्री**

दिवाळखोरी आनी शोधन अक्षमता संहिता, 2016 आनी थंयच्या नियमांचे तरतुदी खाला सादारणपणान लोकांक नोटीस दितात की **मार्मागोआ स्टील लिमिटेड - इन लिक्विडेशन** (कॉर्पोरेट डेबटर/सीडी) च्या मालमत्तेची विक्री करपाची प्रक्रिया **"स्टँडअलोन तत्वाचेर मालमत्ता"** तत्वाचेर, माननीय एनसीएलटी मुंबयन नेमिल्ल्या लिक्विडेटरान तयार केल्ल्या लिक्विडेशन इस्टेटीचो एक भाग तयार करून, **15 फेब्रुवारी 2023 दिसाचे आदेशा वरवीं 06-02-2025 दिसा** जावपाचो आसा. ई-लिलाव **"जंय जशें आसा तशें, जशें आसा तशें, जे कितें थंय आसा ते तत्वार आनी आदार ना ह्या प्रमाण" जातलो. ई-लिलाव सेवा पुरवणदार - रायट2वोट वरवीं अधोहस्ताक्षरी लिलाव करतले.**
सगली मालमत्ता **कस्टम हावज, मुरगांव, गोंय-403803** हांगा आसा.

**रिफ्रेक्टरी साहित्याची (लॅडल विटो आनी पेलेट्स) "स्टँडअलोन तत्वाचेर मालमत्ता" (लिक्विडेशन रेग्युलेशन 2016 च्या नियमन 32 (अ) खाला) विक्री** *आयएनआरांत रक्कम*

| अ. क्र. | मालमत्तेच्या वेळापत्रका सयत वर्णन | राखीव दर | अर्नेस्ट मनी डिपॉझीट (ईएमडी) | इंक्रिमेंटर बोली रक्कम |
|---|---|---|---|---|
| ई - लिलावाची तारीख आनी वेळ 06-02-2025 सकाळीं 11.00 सावन दनपारां 1.00 मेरेन | रिफ्रेक्टरी साहित्याची विक्री (लॅडल विटो आनी पॅलेट्स) | रु. 3,56,457 (तीन लाख छप्पन हजार चारशे सत्तावन रुपया फक्त) | रु. 36,000/- (छत्तीस हजार रुपया फक्त) | रु. 10,000 (धा हजार रुपया फक्त) |

| | |
|---|---|
| पावणेची तारीख आनी वेळ | बिरेस्तार, 06.02.2025 (सकाळीं 11:00 ते दनपारां 01:00 मेरेन) (दरेकी 5 मिनटांचो अमर्याद विस्तार आशिल्लो) |
| अभिरुची अभिव्यक्ती सादर करपाची निमाणी तारीख (ईओआय) आनी (ईएमडी) | अभिरुची अभिव्यक्ती (ईओआय): मंगळार, 21.01.2025 सांजवेळा 06:00 मेरेन<br>अर्नेस्ट मनी डिपॉझीट (ईएमडी): सोमार, 03.02.2025 सांजवेळा 06:00 मेरेन |
| प्रत्यक्ष तपासणी तारीख आनी वेळ (पावणी जावपा आशिल्ली मालमत्ता मुरगांव गोंय हांगा आसा) | शेनवार 25.01.2025 ते शेनवार 01.02.2025 दिसा सकाळीं 10:30 ते दनपारां 2:30 मजगतीं |

इत्सूक अर्जदार https://right2vote.in/eauction/ वा https://ebkray.in/ संकेतथळांचेर ई-लिलावाच्या अटी आनी अटींचो तपशील आशिल्ल्या पुराय ई-लिलाव प्रक्रिया दस्तावेजाचो संदर्भ घेवंक शकतात वा ती मेळोवपा खातीर msl.liquidator@gmail.com हांगां थेट ईमेल करूंक शकतात. ह्या ई-लिलावांतल्यो अटी आनी वेळापत्रक केन्नाय रद्द करपाचो, सुदारपाचो वा वाडोवपाचो अधिकार लिक्विडेटरांक आसा. खंयचेंय कारण सांगनासतना खंयचीय बोली वा बोली लावप्याक न्हयकारपाचो अधिकार लिक्विडेटर राखून दवरता.

तारीख : 06-01-2025
थळ: Hyderabad

एसडी/-
ईएसएस श्रीरामचंद्रा मुर्थी
मार्मागोवा स्टील लिमिटेडचे लिक्विडेटर
आयबीबीआय रजिस्ट्रे. क्र. - आयबीबीआय/आयपीए-001/आयपी01408/2018-2019/12161
इमेल आयडी : msl.liquidator@gmail.com
संपर्क क्र.: +919959184111
31.12.2025 मेरेन वैध आशिल्ल्या नेमणुकां खातीर प्राधिकरण
संपर्क पत्तो : 8-2-698, 502, 5वो माळो, एम. जे. टॉवर, रस्तो क्र.12, बंजारा हिल्स, हैदराबाद, 500034


## मायरन रॉड्रिग्जाचे पयले घरकान्नीक मुंबय पुलिसां कडल्यान अटक

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पणजी :** 130 कोटींच्या गुंतवणूक भानगडींतलो आरोपी मायरन रॉड्रिग्ज हाच्या पयल्या घरकान्नीक एका वेगळ्या गुन्यावा खातीर मुंबय पोलिसांनी अटक केल्या. गोंयच्या गुन्यांव फांट्याच्या मजतीन सुनिता रॉड्रिग्ज हिका मुंबयच्या एमएचबी कॉलनीच्या पुलिसांनी अटक केली.

मायरन रॉड्रिग्ज हांचे सयत सुनिता रॉड्रिग्ज हिका गुन्यांव फांट्यान अटक केल्ली. मडगांव प्रधान सत्र न्यायालयान जामिनाचेर तिची सुटका केल्ली. पणजे जेएमएफसी न्यायालया कडल्यान ट्रान्सीट रिमांड घेवन मुंबय एमएचबी कॉलनी पुलिसांनी तिका अटक करून मुंबयंत व्हेली. 5 कोटी 15 लाख रुपयांच्या भानगड प्रकरणांत मायरन रॉड्रिग्ज हाचे सयत ती दुबावीत आसा. भारतीय दंड संहितेच्या कलम 406, 420 खाला गुन्यांव नोंद जाला.

मायरन रॉड्रिग्ज हाणें गुंतवणूक भानगडींत बऱ्याच जाणाक तोपी घाल्या. फातोर्डें ते लंडन मेरेन ह्या भानगडीचीं व्याप्ती आसा. तपास करतना गुन्यांव फांट्यान कोट्यांनी रुपयांच्यो मालमत्ता जप्त केल्यात.

## मोरजे एएनसीची धाड: 4.5 लाखांचो चरस जप्त, एकल्याक अटक

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पणजी :** गोंय पुलिसांच्या घुंवळे वखदां विरोधी पंगडान (एएनसी) मोरजी- पेडण्यां धाड घालून एकल्याक अटक केली. त्या दुबावितांचें नांव जवाहर सिंह जिबू (रा. कुल्लू- हिमाचल प्रदेश) अशें आसा. पुलिसांनी ताचे कडल्यान 4.5 लाख रुपयांचो 450 ग्राम चरस जप्त केलो.

चड म्हायती प्रमाण, मोरजे हिमाचल प्रदेशांतलो एक मनीस चरस घेवन येवपाचो आशिल्ल्याची म्हायती गोंय पुलिसांच्या घुंवळे वखदां विरोधी पंगडाक मेळिल्ली. ते प्रमाण पुलिसांनी ते सुवातेर लक्ष दवरलें. उपरांत शेनवारा रातचो सांपळो रचून दुबाविताक ताब्यांत घेतलो. ताची तपासणी केली तेन्ना ताचे कडल्यान वट्ट साडेचार लाख रुपयांचो 450 ग्राम चरस सांपडलो.

मुळावे चवकशे मजगतीं तांणी दिल्ले म्हायती प्रमाण, तांणी स्वता ह्या चरसाचें उत्पादन केल्लें आनी तो विकपा खातीर तो गोंयांत आयिल्लो. उपरांत ताचेर घुंवळे वखदां विरोधी कायद्याच्या विवीध कलमां खाला गुन्यांव नोंद करून अटक केली.

हे मोहिमेंत एएनसीचे पुलीस अधीक्षक टिकम सिंह वर्मा तशेंच एएनसी अधीक्षक नेल्सन अलबुकर्क हांच्या मार्गदर्शना खाला आनी पुलीस निरीक्षक सजिथ पिल्लई हांच्या नेतृत्वा खाला पंगडान वाटो घेतलो. हो छापो पुलीस निरीक्षक मंजुनाथ नायक हांणी घालो. ह्या वेळार तांचे वांगडा हेड कॉन्स्टेबल सेड्रीक फर्नांडीस, कॉन्स्टेबल अमित साळुंखे, राहुल गांवस, अक्षय नायक, महिला कॉन्स्टेबल ज्योती नायक आनी पोलीस ड्रायवर कुंदन पाटेकार हजर आशिल्ले.

# बायलांनी सदांच आपलो आत्मसन्मान तिगोवन दवरचो

## वर्षा उसगांवकार हिचो 'श्रीमती सन्मानोत्सव' कार्यावळींत उलो

■ भांगरभूंय | खबरां मेज



हेमा नायक हांकां 'गोमंत प्रतिभा पुरस्कारा'न भोवमानींत करतना अभिनेत्री वर्षा उसगांवकार. वांगडा गोविंद गावडे आनी मानेस्त.

**पणजी:** आयची बायलां सगळ्या मळार दादल्यां इतलीच खरपणान वावुरतात. ते खातीर बायलांनी खंयचेच परिस्थितींत स्वताक उणें समजूंक फावना. बायलांनी आपलो स्वाभिमान तिगोवन दवरलो जाल्यार समाजूय तांचे कडेन वागून तांकां सन्मान दितलो. दरेका बायलांन आपलो आत्मसम्मान सांबाळप गरजेचें, असो उलो नामनेची अभिनेत्री वर्षा उसगांवकार हांणी मारला. प्रियोळ प्रगती मंचान खांडोळेंच्या बिग बी ऑडिटोरियमांत आयोजीत केल्ल्या पयल्या 'श्रीमती सन्मानोत्सव' कार्यावळींत ती उलयताली.

ह्या वेळार राज्य कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे, प्रियोळ प्रगती मंचाचे अध्यक्ष आनी समन्वयक युगांक नायक, कार्यावळ मुखेली रीना गावडे, उत्तर गोंय जिल्हो परिशद वांगडी श्रमेश भोसले, प्रियोळ भाजपा मंडळ अध्यक्ष अनीशा गावडे, राज्य भाजपा बायलां फुडारी सुलक्षणा सावंत आनी मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

ह्या वेळार वत्सल गावडे, भारती भट्ट, कल्पना नायक, रत्ना गावडे हांकां घर आनी संवसार सांबाळपा खातीर केल्ल्या विंगड विंगड समाजीक सेवां खातीर 'श्रीमती सन्मान' पुरस्कार भेटोवन तांचो भोवमान केलो. ह्या पुरस्काराचें स्वरुप मानचिन्न, शाल आनी श्रीफळ अशें आसा.

ह्या वेळार प्रियोळ आनी भोंवतणच्या वाठारांतल्या वेगवेगळ्या बायलां पंगडांनी आनी बायलां कलाकारांनी आपली कला सादर केली. प्रणिता सावंत आनी लक्षिता लवंदे हांणी पुराय कार्यावळीचें सुत्रसंचालन केलें.

**हेमा नायक हांकां 'गोमंत प्रतिभा पुरस्कारा'न भोवमानींत**

गोंयच्या साहित्य, सांस्कृतीक आनी सामाजीक क्षेत्रांत मोलाची कामगिरी करपी बायलांक संस्थे वतीन अंदूंच्यान गोमंत प्रतिभा पुरस्कारान भोवमानींत करपाक सुरवात जाल्या. अंदूंचो पयलोच पुरस्कार साहित्य अकादेमी पुरस्कार जैतिवंत नामनेची कोंकणी लेखिका, प्रकाशिका आनी बायलां संघटिका हेमा नायक हांकां वर्षा उसगांवकार हांचें हस्तुकीं भेटयलो. मानपत्र, मानचिन्न, शाल आनी श्रीफळ अशें ह्या पुरस्काराचे स्वरूप आसा. हेमा नायक यांच्या आयज मेरेनच्या साहित्य आनी सामाजीक सेवे खातीरची कृतज्ञता म्हूण हो पुरस्कार तांकां भेटयिल्ल्याचे संस्थेन सांगलें.

**हेमा सरदेसाय हांच्या पदाचेर बायलांनी धरलो ताल**

हे कार्यावळींत गोंयची गानकोगूळ हेमा सरदेसाय हांणी लेगीत खासा हजेरी लायली. तांणी आपलीं कांय कोंकणी आनी हिंदी पदां गायलीं. तांच्या आवाजाक हजर आशिल्ल्या बायलांनी उपाट प्रतिसाद दिवन पुरस्कार सुवाळ्याच्या कार्यावळीचें गायन-नाच मैफिलींत परावर्तीत केलें.

*जे प्रमाण जिजाऊंनी शिवाजी म्हाराजांक घडयले आनी स्वराज्याची स्थापणूक केली, ते प्रमाण तांचोच आदर्श आयच्या दरेका बायलांनी घेवपाक जाय. आनी हे करीत आसतना न्हयकारात्मक विचार आनी व्यक्ती हांकां आपले पसून सदांच पयस दवरप गरेजेचें. कारण बायलां ही सदांच सकात्मक आनी सृजनात्मक आसतात. न्हयकारात्मक लोक तिच्या ध्येयांत आडखळ हाडटात. ही आडखळ बायलांनी कुशीक दवरपाक जाय आनी सकारात्मक समाजाची बुन्याद घालपाचें म्हत्वाचें काम करपाक जाय.*
**- गोविंद गावडे,**
*कला आनी संस्कृती मंत्री*

